आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date :12/06/2025 6.30 PM

राष्ट्रीय खबरो

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी देशाक आत्मनिर्भर करपाक आनी तंत्रगिन्यानाची उदरगत करपाक मुखेल भुमिका साकारपी भारतांतल्या तरणाट्या नवनिर्मणकर्त्यांची तोखणाय केल्या.डिजिटल इंडिया वरवी तरणाट्यांक नवनिर्माणाचो लाव मेळोवंक मेळ्ळा, जाका लागून फाटल्या 11 वर्सांत संवसारीक तंत्रगिन्यानाची महाशक्त म्हूण भारताची सुवात घटमूट जाल्या. डिजिटल इंडिया उपक्रमान सेवा मेळप आनी पारदर्शकता खूब वाडल्या आनी तंत्रगिन्यान गरीबांतल्या गरीब लोकांक सशक्त करपाचें साधन जालां अशें तांणी सांगलें. पयसुल्ल्या गांवांनी इंटरनॅट ऍक्सॅस ते रियल टाईम डिजिटल फारीकणी मेरेन डिजिटल इंडियाची 11 वर्सां ही समावेशक वाड, नवनिर्माण आनी भारताची डिजिटल महाशक्त म्हणून उदयाची काणी आसा आशे तंणी मुखार सांगले .

अहमदाबाद सावन लंडना वचपी एयर इंडियाचे प्रवासी विमान आयज अहमदाबादातल्या मेघनी नगर वाठारांत कोसळ्ळे . पुलीस आनी उजो पालोवपी दळ बचाव आणि मजती खातीर झुजा पांवड्यार वावुरतात.अपघात सुवातेर वचपी सगले रस्ते येरादारीखातीर बंद दवरल्यात. जखमींक सरकारी हॉस्पिटलांत दाखल केल्यात आनी अपघाताचें कारणविशी चवकशी सुरू आसा.हें विमानांत 242 प्रवासी आशिल्ले तातूंतले 169 भारतीय आनी 53 ब्रिटीश ,7 पोर्तुगेज आनी एक कॅनडियन नागरिक आशिल्ले अशें एअर इंडियान सांगलें. मजगती नागरी विमानन मंत्री के राममोहन नायडू हांणी हे घडणुकेविशी दुख परगटायला. सगल्या आपत्कालीन प्रतिसाद दळाक कारवाय करपाचे निर्देश दिल्यात , बचाव पंगड आनी वैजकी पंगड घडणुक सुवातेर धाडटल्यात अशें तंणी म्हणलां.

इतले मजगती प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी घरमंत्री अमित शहा आणि नागरी विमानन मंत्री राममोहन नायडू हांचे वांगडा उलयतना अपघाताचो नियाळ घेतलो. सरदार वल्लभभाई पटेल आंतरराष्ट्रीय विमानतळ फुडले सुचोवणे मेरेन बंद दवरला ला .

ह्या अपघाता उपरांत केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहान गुजराताचे मुख्यमंत्री भूपेंद्र पटेल हांचे कडेन उलयले. ह्या अपघातांत जखमी जाल्ल्या लोकांक बेगोबेग उपचारा खातीर ‘ग्रीन कॉरिडोर’ तयार करपाचो आदेश मुख्यमंत्री भूपेंद्र पटेल हांणी दिला.विमान अपघाता उपरांत नागरी विमानन मंत्रालयाची नियंत्रण कक्ष सक्रिय केल्या. 011-24610843 वा 9650391859 ह्या नंबराचेर संपर्क सादपाचें आवाहन मंत्रालयान केलां.

विकासित कृशी संकल्प अभियान गावगिर्या शेतकारांची समस्या आनी आव्हानां समजून घेवपाक मजत करतले अशें केंद्रीय कृशी मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी म्हळा . तंणी आयज गुजरातांतल्या बारडोलीत किसान सम्मेलनाक मार्गदर्शन करताना सांगले की ( bytes35 sec ) सैमीक शेती मळार गुजराताच्या फुडारपणाची तांणी ह्यावेलर तोखणाय केली.

केंद्रीय अल्पसंख्यांक वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हांणी आयज नवी दिल्लीत लोकसंवर्धन पर्वा कार्यावळीचें उक्तावण केलें. हे वरवी सबका साथ , सबका विकास, सबका विश्वास, सबका प्रयासा खाला सरकाराच्यो मुखेल येवजण्यो, कार्यावळी आनी कामगिरीविशी म्हायती लोकमेरेन पव्यतले .

आयुष राज्यमंत्री प्रताप्राव जाधव हांणी अंदूं आंतरराष्ट्रीय योग दिसा निमतान 21 तारखेक सकाळीं 6:30 ते 7:40 मेरेन एकाच वेळार लाखां परस चड योग कार्यावळी घडोवन हाडटले अशें जाहीर केलें. एक धर्तरी, एक भलायकी हो ह्या वर्साचो योगदिसचो विशय आसा. मुखेल कार्यावळ आंध्र प्रदेशांतल्या विशाखापत्तनमांत जातली जातूत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी वांटेकार जातले .सुमार 40 देशांतले प्रतिनिधीय ह्या कार्यावळींत वांटो घेतले. देशभरांतल्या 65 हजारां परस चड संघटनांनी ह्या खाशेल्या योग संगमाखातीर नोंदणी केल्या अशी म्हायती जाधव हांणी आयज नवी दिल्लींत जाल्ले पत्रकार परिशदेंत दिली.

भारतिय हवामान खात्यान दिल्ली आनी पंजाबांतल्या कांय वाठारांनी उश्णतायेच्या ल्हारांखातीर रेड अलर्ट जारी केला. मजगती फुडल्या तीन दिसांत कर्नाटक, कोंकण, गोंय, केरळ, माहे, महाराष्ट्र, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकलात चड पावस पडपाची शक्यताय imdn उक्तायला .

एफआयएच हॉकी प्रो लीग सरतीत आयज सांजे 06:30 वरांचेर नेदर्लंडसातल्या वेगेनर हॉकी स्टेडियमांत भारतीय दादल्यांचो पंगड आर्जेन्टिना पंगडा आड खेळटा